Akashwani Panaji 28th March 2026

National news 8.40 am

P

M 160

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, अस्तंत आशियांतल्या विकसीत जावपी परिस्थिती मदीं अर्थीक आनी वेपारी स्थिरताय सांबाळप, उर्जा सुरक्षा सुनिश्चीत करप, नागरिकांचें हितसंबंद राखप आनी उद्देग आनी पुरवण साखळी घटमूट करप हीं सरकाराचीं मुखेल प्राधान्यां आसा अशें सांगला. अस्तंत आशियांत जाल्ल्या संघर्शाचो आनी भारताचेर जावपी परिणामाचो नियाळ घेवपा खातीर काल सांजवेळा राज्य आनी केंद्रीय प्रदेशांच्या मुखेलमंत्री आनी लेफ्टनंट गव्हर्नरां वांगडा आभासी रिट्यान उच्च पांवड्यावेले बसकेचे अध्यक्षपद सांभाळताना प्रधानमंत्री मोदी हांणी अशें सांगलें. हे बसकेंत प्रधानमंत्र्यानी केंद्र आनी राज्यां मदीं सादूरताय, नियोजन, आनी विनाशिल समन्वयाची गरज आसा हाचेर भर दिलो. टीम इंडिया म्हूण एकठांय काम करून देश सगळ्या आव्हानांतल्यान येसस्वीपणान वाट काडटलो असो विस्वास प्रधानमंत्र्यांनी उक्तायलो. परिस्थिती गतीशील उरता आनी प्रतिसाद दिवपाची गरज आसा अशें तांणी नदरेक हाडलें. तशेंच पुरवण साखळींचें काम सुचारूपणान चलचें आनी संग्रहण आनी फायदो मेळोवपा आड खर उपाय करचो असो प्रधानमंत्री मोदी हांणी राज्यांक उलो मारला. तशेंच शेतकी

क्षेत्रांत आगाऊ नियोजन करपाचें म्हत्व , खास करून खरीफ हंगामा आदीं फावो तें सारें उपलब्ध आसा हाची खात्री करपाचे तांणी सांगलें

PM 40

प्रधानमंत्री मोदी आयज उत्तर प्रदेशांतल्या जेवारात नोएडा आंतरराष्ट्रीय विमानतळाचा  फेज -1 नाचो उक्तावण करतले. सुमार 11 हजार दोनशें कोटी रुपयांची वट्ट गुंतवणूक करून विमानतळाची उदरगत केल्या. ह्या विमानतळाचें उक्तावण भारताच्या जागतीक विमानन केंद्र जावपाच्या प्रवासांत एक म्हत्वाचो मार्गदर्शक फातर थारता.

**130 अर्थमंत्री**

केंद्र सरकारान देशांतल्या वापरा खातीर पेट्रोल आनी डिझेलाचेर दरेक लिटराक 10 रुपया केंद्रीय अबकारी कर उणो केला. केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सोशल मिडिया पोस्टांत अस्तंत आशियांतल्या संकश्टाक लागून हो निर्णय घेतला अशें सांगलां. हे चालीक लागून गिरायकांक दर वाडपा पसून थाकाय मेळटली अशें मंत्री सीतारमण हांणी सांगलें.डिझेलाचे

निर्यातीचेर दर लिटराक 21.5 पैशे आनी एव्हिएशन  टर्बाइन इंधनाचेर दर लिटराक 29.5 पैशे  प्रति लिटर शुल्क आकारला जाका लागून देशांतल्या वापरा खातीर ह्या उत्पादनांची फावो ती उपलब्धताय मेळटली अशें तिणें फुडें सांगला.

shah 90

वेंचणूक वळेरेंतल्या खाशेल्या सघन सुदारणांचो हेतू म्हळ्यार बनावट कागदपत्रांच्या आदाराचेर मतदारांच्या वळेरेंत आस्पाव जाल्ल्या घुसखोरांचीं नांवां काडून उडोवपाचो आसा अशे घरमंत्री अमित शाहा हाणी सांगलें  . काल सांजवेळा नवी दिल्लींत जाल्ल्या खाजगी मिडिया शिखर सभेंत उलयतना तांणी , मतदारांची वळेरी एकात्मता आनी अचूकता सुनिश्चीत करपाचो हेतू आसाअशे कळयलें . तमिळनाडू आनी केरळ सयत जायत्या राज्यांनी एसआयआर प्रक्रिया व्हड प्रमाणांत सुरू जाल्या . मजगती ,अस्तंत आशियांत चालू आशिल्ल्या संघर्शाचेर उलयतना घरमंत्र्यांनी , व्यत्यय आयले पडले तरी भारतांतल्या दिसपट्ट्या जिणेचेर परिणाम जावंक ना आनी देशान संकश्ट प्रभावीपणान वेवस्थापन केलां अशे आश्वासन तांणी दिला.

**Sujata sharma**

पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयाची संयुक्त सचीव सुजाता शर्मा हांणी, भारतांत सध्या कच्च्या तेलाची फावो ती सामुग्री आसा, फुडल्या दोन म्हयन्यां खातीर पुरवण सुरक्षीत आसा आनी एलपीजी आनी पीएनजी उपलब्धताय मुबलक प्रमाणन आसा.. अशें सांगलें.

Jaishankar 143

विदेश वेव्हार मंत्री dr s जयशंकर हांणी फ्रांसांत जाल्ले जी-7 विदेश वेव्हार मंत्र्यांचे बसके वेळार, संवसारीक अर्थीक सुरक्षे खातीर नौवहन स्वातंत्र्याचें म्हत्व sangla .सोशल मिडिया पोस्टांत dr जयशंकर हांणी , बसकेंत खनिजां विशीं आपल्या मोल साखळींत सहकार्य वाडोवपा खातीर चालू आशिल्ल्या यतनांची तोखणाय केल्या आनी नार्को - आतंकवाद संबंदांचेर चर्चा केल्या अशे सांगले . हाचे आदीं विदेश वेव्हार मंत्री अमेरिकेचे राज्य सचीव मार्को रुबियोक मेळून बसकेच्या फॅटभुयेर उत्पादक उलोवणी केल्यो. साउदी अरेबियाचे समकक्ष फैसल बिन फरहान हांचे कडेन जाल्ले बसकेंत विदेश वेव्हार मंत्री dr s जयशंकर हांणी अस्तंत आशिया विशीं फरहानान केल्ल्या मुल्यांकनांची तोखणाय केली आनी दोनूय देशां मदल्या द्विपक्षीय सहकार्याचेरूय चर्चा केली.

**बलेंद्र शाहा**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी बलेंद्र शाहा हांका नेपाळाचो प्रधानमंत्री म्हूण सोपूत घेतिल्ल्यान परबीं दिल्या. दोनूय राश्ट्रांच्या नागरिकांच्या परस्पर फायद्या खातीर भारत-नेपाळ इश्टागत आनी सहकार्याक आनीक उंचायेर व्हरपा खातीर नेपाळचे प्रधानमंत्री शाहा हांचे वांगडा लागींच्यान वावुरपाची आस्त बाळगता अशें प्रधानमंत्री  मोदी हांणी सांगलें.

76 VP

उप्राष्ट्र्पती  सीपी राधाकृष्णन आयज  Indian Institute of Management (IIM, रांचीच्या 15व्या दीक्षांत सुवाळ्याक आनी झारखंडांतल्या रांची हांगा आभासी रिट्यान  रियलिटी केस रिपॉझिटरी सुरू करपाक हाजीर रावपाचे आसात. उपराष्ट्रपती आयज बिरसा मुंडा विमानतळार पावतले आनी आदिवासी स्वातंत्र्य झुजारी बिरसा मुंडा हांच्या जल्मस्थान आशिल्ल्या Khuntiच्या  Ulihatu गांवांत भेट दीतले.

hormuz 58

चालू आशिल्ल्या संघर्शांतलो एक म्हत्वाची सुवात आशिल्ल्या होर्मुझ खाडीतल्यान मानवतावादी मजत सुलभ करपाक  इराणान मान्यताय दिल्या. संयुक्त राश्ट्रांतले इराणी राजदूत अली बहरेनी हांणी जिनीव्हांत , तेहरानान

आपल्या अणुकेंद्रीय सुविधांचेर हल्लो सोंसून लेगीत मानवतावादी मजत आनी शेतकी माल गंभीर उदकामार्गांतल्यान वचपाक दिवपाची मागणी संयुक्त राश्ट्रांची मान्य केल्या अशे सांगले .

Imd 53

भारतीय हवामान खात्यान आयज अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, उपहिमालय अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमात व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शिटकावणी आनी orange alert ज्यारी केला . बिहार, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमात ह्या दिसानि गडगड आनी वादळ येवपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या .अस्तंत बंगाल, हिमाचल प्रदेश आनी ओडिशा हांगा आयज गडगड येवपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला

sports 30

इंडियन प्रिमियर लीगची एकुणिसावी आवृत्ती आयज सांजवेळा बेंगळुरूच्या एम चिन्नास्वामी स्टेडियमाचेर सुरू जावपाची आसा. डिफेंडिंग चॅम्पियन रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आनी सनरायझर्स हैदराबाद हांचे मदीं मॅच सांजवेळा 7:30 वरांचेर सुरू जावपाची आसा